**Goa Staff Selection Commission**
6th Floor, 3rd Lift, SPACES Building, Patto Plaza, Panaji-Goa – 403001
Website: gssc.goa.gov.in

No.1/36/2023-GSSC/330 Dated: 04/06/2024

# सीबीटी खातीर बसपी परिक्षार्थ्यांक सुदारीत सुचोवण्यो

## सामान्य सुचोवण्योः

1. परिक्षार्थ्यांनी नमूद केल्ल्या रिपोर्टींग वेळा भितर नेमिल्ल्या परिक्षा केंद्राचेर हाजीर रावचें.
2. मोबायल फोन वा हेर खंयचीय प्रतिबंधीत उपकरण घेवन परिक्षा केंद्राचेर प्रवेश करपा पासून थांबोवपा खातीर पुलीस कर्मचारी परिक्षार्थ्यांची तपासणी करतले.
3. परिक्षा सुरू जावचे पयलीं 15 मिण्टां आदीं परिक्षेचे सुवातेर प्रवेश बंद करतले.
4. परिक्षार्थ्यांनी परिक्षेचे सुवातेर **फकत** सकयल दिल्ल्यो वस्तूच वांगडा व्हरपाचो सल्लो दितातः
   a) नोंदणीकृत उमेदवारांनी ई-मेला वरवीं धाडिल्ल्या ई-प्रवेश पत्राची मुद्रीत प्रत काडची. **उमेदवाराक ई-प्रवेश पत्राची हार्ड कॉपी नासतना परिक्षा हॉलांत प्रवेश करूंक परवानगी मेळची ना.**

   b) फोटो वखळपत्र (आधार कार्ड/पासपोर्ट/पॅन कार्ड/वाहन चालक परवानो) **मूळ स्वरुपांत.**

   c) दिव्यांग प्रमाणपत्र, जरी लागू आसल्यार.

5. रफ कामा खातीर पेपरः

a) परिक्षा हॉलांत/रुमांत एक बॉल पॉयण्ट पॅन आनी रफ कामा खातीर 4-5 कोरे पेपर शिट्स उपलब्ध करून दितले.

b) उमेदवारांनी आपलें नांव आनी अर्ज क्रमांक शिटाच्या वयर बरोवचो आनी परिक्षा हॉलांतल्यान/रुमांतल्यान भायर सरचे पयलीं **चुकय नासतना** शिट परत दिवचे.

6. **स्मार्टवॉच, कॅल्क्युलेटर, मोबायल फोन्स, हेडफोन्स, डिजीटल डायरी, पेजर्स, कॅमेरा, ऑडिओ/व्हिडिओ कॅसेट्स, कॉम्पॅक्ट डिस्क्स, एमपी3, फ्लॅपी डिस्क्स, फ्लॅश ड्रायव्ह, मॅमोरी स्टिक्स, ब्ल्यूटूथ डिव्हायस, लॅपटॉप वा टॅब्लेट संगणक, पोर्टेबल म्युझीक प्लेयर्स आदीं वा हेर खंयचींय इलॅक्ट्रॉनीक उपकरणां परिक्षा हॉलांत भितर व्हरूंक परवानगी ना. तुमी परिक्षा हॉलांत प्रवेश करचे पयलीं ते तुमच्या बॅगांत दवरूंक शकतात..**

7. परिक्षा हॉलांत गरज पडल्यार स्वताची ट्रान्सपरण्ट उदकाची बाटली व्हरपाक परवानगी दितले. (स्टिलाच्या बाटल्यांक परवानगी ना).

8. सीबीटी खातीर दिल्लो पुराय वेळ सोंपता मेरेन खंयच्याय परिक्षार्थ्याक परिक्षा कक्षाच्या/कुडीच्या भायर वचपाक परवानगी दिवचे नात.

9. परीक्षेच्या निमण्या 30 मिण्टांत खंयच्याय परिक्षार्थ्याक शौचालय वापरपाची परवानगी दिवचे ना.

10. सीबीटी उपरांत कामकाजाच्या दुसऱ्या दिसा आयोगाच्या संकेतथळार अपलोड केल्लो निकाल तात्पुरतो आसतलो आनी कागाळी सोडोवपाची प्रक्रिया पुराय जाल्या उपरांतूच निमाणो निकाल प्रदर्शीत जातलो. कागाळी सोडोवपा संबंदी सुचोवण्यो आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आसा.

11. ई-प्रवेशपत्रांत कसल्योय विसंगती आसल्यार, परिक्षार्थ्यांनी ते आयोगाक ई-मेला वरवीं ताची माहिति दिवप गरजेची आसा.

12. दृश्टीहीन परिक्षार्थी, लोकोमोटर दिव्यांगत्व परिक्षार्थी आनी बरोवंक आनी टायपिंग करपाचे क्षमतेंत उणाव आशिल्ले सेरेब्रल पाल्सी परिक्षार्थी, दोनूय हातांची समस्या आशिल्ले परिक्षार्थी आनी अशे तरेचे हेर दिव्यांग परिक्षार्थी स्थायी सुचोवणे प्रमाणें पूरक वेळ/बरोवपी मेळोवंक पात्र थारतले.

13. आयोगा वरवीं परिक्षेच्या दिसा बरोवपी उपलब्ध करून दितले. परिक्षार्थ्यांक तांचे स्वताचे बरोवपी दवरपाची परवानगी दिवचे नात.

14. बरोवप्याची सुविधेची आवश्यकता आशिल्ल्या सगळ्या दिव्यांग परिक्षार्थ्यांनी, परिक्षार्थ्याच्या ई-मेलाचेर ई-प्रवेशपत्र मेळ्ळ्या उपरांत 2 कामकाजाच्या दिसां भितर परिक्षार्थ्याच्या वैजकीय तपशिला सयत आयोगाक us.gssc@goa.gov.in चेर कळोवचें.

15. वस्तुस्थितीचो आडावो घेतल्या उपरांतूच आयोग परिक्षार्थ्याक सुचोवणी दिवन बरोवपी दितले.

16. वयर दिल्ल्यो सुचोवण्यो कडक रितीन पाळप गरजेचें आसा आनी परिक्षा केंद्राचेर खंयच्याय सुचोवण्यांचे उल्लंघन आनी खंयच्याय  अनुचीत मार्गाचो वापर केल्यार, परिक्षार्थी जापसालदार आसतलोः

a) ज्या पदा खातीर तो/ती अर्जदार आसा त्या पदाच्या निवडी खातीर आयोगान अपात्र थारावप.

b) आयोगान घेतिल्ले खंयचेय परिक्षेंतल्यान वा निवडींतल्यान कायमस्वरुपी वा विशिश्ट कालावधी खातीर प्रतिबंदीत करप आनी ह्या प्रकरणांत आयोगाचो निर्णय अंतीम आनी बंधनकारक आसा.

c) तो/ती पयलींच सरकारी सेवेंत आसल्यार, योग्य नेमा प्रमाणें शिस्तभंगाची कारवाय.

(शशांक व्ही. ठाकूर)
सचीव (जीएसएससी)

---